**<u>मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं आदिवासी कल्याण खात्याच्या मल्टिपर्पज सभाघराचे उक्तावण</u>**

ता. 05 जानेवारी 2022

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज दिवचल म्हालातल्या सांखळी हांगाच्या हाऊसिंग बोर्डात आदिवासी कल्याण खात्याच्या मल्टिपर्पज सभाघराचे उक्तावण केले.

आदिवासी कल्याण खात्याच्यो संचालिका श्रीमती त्रिवेणी वेळीप, गोंय राज्य साधनसुविधा विकास म्हामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. हरिष हडकोणकर, श्री. दयानंद बोर्येकर, श्री. यशवंत माडकर, श्रीमती रश्मी देसाय आनी हेर अधिकारी उक्तावण कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान हाऊसिंग बोर्ड वांठारांत पुर्ण केल्ल्या विकास कामांची म्हायती दितना सरकारान हाऊसिंग बोर्ड वांठारांतल्या विकास कामांचेर कोटीनी रूपयां खर्च केल्ल्याचे म्हणलें.

मुख्यमंत्र्यान राज्याच्या सर्वांगी विकासा खातीर लोकांनी सरकाराक सहकार्य करपाचोय उलो मारलो.

श्रीमती शुभदा सावयकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. श्री. संतोष भगत हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

उपरांत मुख्यमंत्र्यान प्रतापनगर हरवळे हांगा नुतनीकरण केल्ल्या सरकारी मुळाव्या शाळा इमारतीचे उक्तावण केले. हरवळे ग्रामपंचायतीचे सरपंच आनी पंच वांगडी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/15

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji